## नमस्कार आकाशवाणी पणजीच्या प्रादेशिक खबरविभागा वरवी सविता बर्वे तुमका प्रादेशिक खाब्रो दिता

### मुखेल खब्रो

गोंंय विधानसभेचे अर्थसंंकल्पी अधिवेशन 6 मार्च ते 27 मार्च 2026 मेरेन जावपाचे आसा. हे विशीची अधिसूचोवणी राज्यपालांंनी जारी केल्या.

सरकार तुमच्या दारी कार्यावळ 6 फेब्रुवारीसावन गोंयच्या 12 म्हालांनी सूरू जातली अशी म्हायती मुखेलमंत्रांनी  दीला

बेकार आनी अकुशळ तरणाट्यांक खाशेलें कुशळटाय प्रशिक्षण दितले आनी उपरांत प्लेसमेंटूय दितले अशें मुखूलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी आयज जाहीर केलें.

मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी आयज उजो पालोवपी दळ आनी आपत्कालीन सेवा संचालनालयाचे पुनरावलोकन बसकेचे अध्यक्षपद सांबाळ्ळें.

आयज कोंकणी राजभास दिस.

### गणेश

गोंंय विधानसभेचे अर्थसंंकल्पी अधिवेशन 6 मार्च ते 27 मार्च 2026 मेरेन जावपाचे आसा. हे विशीची अधिसूचोवणी राज्यपालांंनी जारी केल्या. हे अधिवेशन सेगीत जावचे ना. अदी मदि विसव घेवन ते 14 दिस चलतले. हे अधिवेशनात मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हे 2026 - 27 वर्साचो अर्थसंकल्प सादर करतले. केंद्रीय अर्थसंकल्प जाल्या उपरांंत मुखेलमंंत्री डॉ. प्रमोद सावंंत हे दर वर्सा अर्थसंंकल्प सादर करतात. अंंदू परत मार्च म्हयन्यात राज्याचो अर्थसंंकल्प सादर जातलो. अर्थसंंकल्प तयार करपाची प्रक्रीया सुरू जाल्या. जानेवारी सावन तरेकवार खात्यांंच्यो बसका घेवपाक सुरवात जाल्या.

### रश्मी

सरकार तुमच्या दारी कार्यावळ 6 फेब्रुवारीसावन गोंयच्या 12 म्हालांनी सूरू जातली अशी म्हायती मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी दीला. ह्या मोहीमेक 80% बरो प्रतिसाद मेळ्ळा.जाल्यार दर दीसा ह्या कियर्यावळीत सुमार 2-2.5 हजार नागरीक वाटो घेतात अशी म्हायती मुखेलमंत्र्यान

दील्या. 6 फेब्रुवारीक फोंण्यच्या राजीव गांधी कला मंदिरांत सरकार तुमच्या दारी ह्या कार्यावळीची सुरवात जातली अशी म्हायती मुखेलमंत्र्यान दील्या. Bytes २८ सेक सकाळी 10- सांजेचे 5 वरामेरेन वेगवेगळया खात्याचे अधिकिरी ह्या उपक्रमात वाटो घेतले.गोंयकारांनी ह्या उपक्रमाचो लाव घेवन सरकारी येवजण्यो आनी सुविधांचो लाव घेवचो अशे तांणी म्हणला.

१०५

बेकार आनी अकुशळ तरणाट्यांक खाशेलें कुशळटाय प्रशिक्षण दितले आनी उपरांत प्लेसमेंटूय दितले अशें मुखूलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी आयज जाहीर केलें.

हें प्रशिक्षण पर्यटन, हॉस्पिटॅलिटी, लॉजिस्टीक आदी वेगवेगळ्या उद्देगां खातीर आसतलें. दिसाक 160 रुपया भत्तो, तेचपरी फुकट जेवण आनी हॉस्टेल सुविधाय दितले ह्या प्रशिक्षणावरवी दीतले. दीनदयाल उपादय ग्रामीण कौशल्या रोझगार येवजणे खाला केंद्र सरकाराच्या जोडपालवान गोंय सरकार ही येवजण चालीक लायतात. 18 ते 35 वर्सां पिरायेच्या गटांतल्या तरणाट्यांक आनी अनुसूचित जाती अनुसूचित जमाती खातीर तशेंच दिव्यांग आशिल्ल्यांक आनी 18 ते 45 वर्सां पिरायेच्या बायलांक हांतुन प्रशिक्षण दीतले. 3 आनी 6 म्हयन्याच्या कालावधीचे वेगवगळे प्रशिक्षण दीतले. 300 जणांचो प्रत्येकी एक बॅच आसतलो. गोंयच्या 12 म्हालातल्या 17 वाठिरांनी हे प्रशिक्षण दीतले अशी म्हायती मुखेलमंत्र्यान दीला.

६५

सुरक्षा नेमाक पालव दिवपा सयत फायर एनओसी बेगिनात बेगीन दिवपाचे निर्देश उजो पालोपी खात्याच्या अधिकाऱ्यांक दिल्या, अशें मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी सांगलें.

मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी पर्वरी मंत्रालयात उजो पालोपी दळाच्या अधिकाऱ्यांची बसका घेतली. वेवसाय सुलभीकरण प्रक्रीयेचो भाग म्हूण फायर एनओसी थाराविक वेळेत मेळपाक जाय. फायर एनओसी दिवपाच्या प्रक्रीयेचो मुखेलमंत्र्यांनी बसकेत नियाळ घेतलो. शॅक तशेच तात्पुरत्या वेवसायीक आस्थापना खातीर तात्पुरती एनओसी दिवपाचे आदेश दिल्याचे मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी सांगलें. ते भायर संसाधनां, प्रतिसाद यंत्रणा आनी कार्यकारी तयारीचें सामान्य

मुल्यांकन केलें आनी कार्यक्षमताय, समन्वय आनी भौशीक सेवा दिवप घटमूट करपाक अधिकाऱ्यांक निर्देश DILE

गोंयचे मुख्यमंत्री प्रमोद सावंत आयज पणजेच्या कॅम्प ग्राउंडांत गोंय पुस्तक महोत्सवाचें उक्तावण कले. ह्या महोत्सवांत 200 वयर स्टॉल AASAत. कोंकणी, मराठी, इंग्लीश ह्या सारक्या जायत्या भाशांतल्या पुस्तकांचेर पर्यटकांक 10 टक्के सवलत मेळटली. महोत्सवांत प्रवेश फुकट आसता. नॅशनल बुक ट्रस्टाचे संचालक युवराज मलिक आनी लोकमान्य सांस्कृतीक फावंडेशनाचे अध्यक्ष किरण ठाकुर हांणी साहित्य महोत्सवा विशीं सविस्तर म्हायती दिली. ह्या महोत्सवांत सचिन पिलगांवकार, मृणाल कुलकर्णी, आचार्य प्रशांत सारके नामनेचे वक्तेय आसतले. मारियो मिरांडाक समर्पीत केल्ल्या खाशेल्या प्रदर्शनां वरवीं आनी भुरग्यां खातीर कार्यशाळा वरवीं ही कार्यावळ राज्यभर वाचन संस्कृतायेक चालना दिता. आयतारा हो महोत्सव सोंपता.

आयज कोंकणी राजभास दिस. मुख्यमंत्री डॉ प्रमोद सावंत हाणी समेस्त गोंयकारांक कोंकणी राजभास दिसाचीं उर्बेभरीत परबीं दिल्यात . कोंकणी ही फकत उलोवपाची भास न्हय, तर तो आमचो स्वास, आमची संस्कृताय आनी आमचें दायज आसा अशे ताणी समज माध्यमावेला संदेशात म्हणला .

पणजेच्या संस्कृति भवनांतल्या गोंय राज्य केंद्रीय ग्रंथालयांत आयज 39वो कोंकणी राजभास दीस मनयलो. 4 फेब्रुवारी 1987 हे दिसा कोंकणी ही गोंयची एकमेव राजभास म्हूण जाहीर केल्लि, त्या दिसाचो उगडास म्हणून हो दीस मनयतात. ह्या कार्यावळीचे मुखेल सोयरे म्हुण गोंय विद्यापिठाचे कोंकणीचे सहाय्यक प्राध्यापक डॉ. हनुमंत चोपडेकर आशील्ले .आमचीं मुळां जाणून घेवप म्हत्वाचें आसा आनी तातूंत भाशेचो व्हड वांटो आसा" कोंकणी राजभास दिसाचो हो उत्सव सामान्य मनशा खातीर आसचो आनी सगळ्यांनी ताचें म्हत्व वळखुपाक जाय अशेंय तांणी सांगलें. कोंकणी गोंयची राजभास करपाच्या धैर्यपूर्ण संघर्शांतल्या म्हत्वाच्या खिणांचोय नामनेचो कोशकार आनी व्याकरणकार श्री दामोदर घाणेकार हंचो उगडास केलो.

जाण १२५

प्रधानमंत्री श्री नरेंद्र मोदी हांचो संवादात्मक कार्यक्रम "परीक्षा पे चर्चा 2026" शुक्रारा, 6 फेब्रुवारी 2026 दिसा जावपाचो आसा.ह्या कार्यावळी वेळार मानादीक प्रधानमंत्री परिक्षे संबंदीत

ताण पयस करपाक विद्‌यार्थ्यांक मार्गदर्शन करतले. परिक्षेची तयारी, ताण वेवस्थापन, आनी वैयक्तीक उदरगती विशीं म्हत्वाची चर्चा ह्या वेळार जातली.

ही कार्यावळ दूरदर्शनाचेर सकाळीं 10:00 वरांचेर डीडी नॅशनल, डीडी न्यूज, आनी डीडी इंडिया ह्या चॅनलांचेर प्रसारीत जातली. तशेंच ऑल इंडिया रेडिओ सयत रेडिओ चॅनलांचेरय ताचें प्रसारण जातलें. राज्यातल्या सगळ्या शाळांनी ही कार्यावळ आपआपल्या विद्‌यार्थ्यांक दाखोवपाक फावो ती तजविज करची अशे gscert न मांगला

भौशीक बांदकाम खात्यान 8 फेब्रुवारीक आयतारा सांजे 8:00 ते सोमार सकाळीं 8:00 मेरेन बोरी पूल येरादारी खातीर पुरायपणान बंद करपाची अधिसुचोवणी जारी केल्या. रस्त्याचें उरिल्लें दुरुस्ती आनी काम बेगीन पुराय करपाक मेळचें म्हणून हो निर्णय घेतला.ह्या काळांत येरादारी पुलीसांच्या समन्वयान थारायिल्ल्या प्रमाण फोंडा आनी मडगांव मदीं दोनूय दिकांनी येरादारी पर्यायी मार्गांचेर वळयतले.

हवामान४०

पणजी वेधशाळेन नोंद केल्या प्रमाण आयज पणजेत चडात चड तापमान 34.5औंश सेल्सिअस जाल्यार उण्यात उणे २१.0 औंश सेल्सिअस नोंद जाला. तशेच मुरगावात चडात चड तापमान३3.8 औंश सेल्सिअस जाल्यार उण्यात उणे 22.2 औंश सेल्सिअस नोंद जाला . तशेच राज्यात हवामान सुके आसतले अशे वेधशाळेन म्हणला

खेळ

धंपो स्पोर्ट्स क्लबान एफसी गोंयाक टायब्रेकरांत 5आड 4 अशे हरावोन गोंय पुलीस कप फुटबॉल सर्तीच्या फुडले फेरये खातीर पात्रताय मेळयली.

आता परतून एक फावत काय मुखेल खबरो

गोंंय विधानसभेचे अर्थसंंकल्पी अधिवेशन 6 मार्च ते 27 मार्च 2026 मेरेन जावपाचे आसा. हे विशीची अधिसूचोवणी राज्यपालांंनी जारी केल्या.

सरकार तुमच्या दारी कार्यावळ 6 फेब्रुवारीसावन गोंयच्या 12 म्हालांनी सूरू जातली अशी म्हायती मुखेलमंत्रांनी दीला

बेकार आनी अकुशळ तरणाट्यांक खाशेलें कुशळटाय प्रशिक्षण दितले आनी उपरांत प्लेसमेंटूय दितले अशें मुखूलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी आयज जाहीर केलें.

मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी आयज उजो पालोवपी दळ आनी आपत्कालीन सेवा संचालनालयाचे पुनरावलोकन बसकेचे अध्यक्षपद सांबाळ्ळें.

आयज कोंकणी राजभास दिस.

इत्ल्यान ह्यो खाब्रो सोपल्यो आमचे फुडले खब्रापत्र तुमका आईकुपाक मेलतले फाल्या सकाळी 7 जावव 25 मिनिताचेर